Panaji

National News

18 June 2026,6.30pm.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सावन मध्य प्रदेश आनी ओडिशाच्या पांच दिसांच्या भोवडेर गेल्यात .आयज त्यो इंदौर विमानतळार पावल्यो आनी थंय मध्य प्रदेशाचे राज्यपाल मंगूभाई पटेल आनी मुखलमंत्री डॉ मोहन यादव हांणी तांका येवकार दिलो.इंदूर सा वन राष्ट्रपती बेतुलाक प्रवास करून प्रजापिता ब्रह्म कुमारी ईश्वरीय विश्व विद्यालयान आयोजीत केल्ल्या "आध्यात्मिक जागृताय वरवीं आदिवासी समाजाचें सशक्तीकरण" ह्या कार्यावळीक हाजीर रावले.आदिवासी समाजांक सशक्त करपाचो हेतू आशिल्ली ही परिशद फकत प्रदेशा खातीर न्हय तर पुराय देश आनी समाजा खातीर म्हत्वाची अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी मेळाव्याक संबोधीत करतना सांगलें.

भारताचें सांस्कृतीक दायज नव्यान उर्बेन सांबाळून दवरतात, मनयतात आनी मुखार व्हरतात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें की, 'विरासत भी, विकास भी' ह्या दृश्टीकोनाच्या मार्गदर्शना खाला पोण्र्या वस्तूंक परतून हाडपा सावन आध्यात्मिक आनी तीर्थयात्रेची मुळावी बांदावळ घटमूट करपा मेरेनचे यत्न भारताच्या कालबाह्य परंपरे कडेन लोकांक परतून जोडपाक लागल्या. अशे प्रधानमंत्री मोदी हाणी म्हटला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हटला की, योग भारताच्या आध्यात्मिक आणि सांस्कृतिक वारशात रुजलेलो असून सीम ओपुन संसाभर पावला .केंद्रीय आयुष मंत्री प्रतापराव जाधव हांचो एक लेख सोशल मीडियाच्येर शेअर करताना प्रधानमंत्रांनी हे विधान केले .आयज संवसारभर योगाची परब मनयतना हातुताल्यान कालबाह्य परंपरेची नवी कदर दिसून येता अशें श्री मोदी हांणी सांगलें.

अन्न सुरक्षा सुनिश्चीत करपा खातीर फकत शेतकी उत्पादन चड न्हय तर शास्त्रीय सांठो आनी अन्नधान्यांचें कार्यक्षम वितरण करपाची गरज आसा अशें गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी आयज सांगलें. आयज नवी दिल्लींत भारतीय अन्न

म्हामंडळाच्या  एका कार्यावळीच्या उक्तावण सुवाळयांत  ते उलयताल्ये . तंत्रगिन्यान आनी डिजिटलीकरणाक लागून भौशीक वितरण वेवस्थेंत बदल जाला आनी अन्नधान्य वितरणांत पारदर्शकता घटमूट जाल्या अशें तांणी नदरेक हाडलें.

आयज ऑटिस्टिक अभिमान दिस मनयतात . हो दिस  ऑटिस्टिक व्यक्तींखातीर  अभिमानाचे महत्त्व अधोरेखित करता. आणि ऑटिझमाक एक दुयेस नय तर  एक वेगळेपण म्हणून समजून घेवपाक उर्बा दिता. मान्यता, प्रतिनिधित्व आणि सुधारणा. ह्या तीन मुखेल स्तंभांच्येर ऑटिस्टिक अभिमान दिस २०२६ चे मुख्य विषय  केंद्रित आसा.

सर्वोच्च न्यायालयान आयज देशभरातली राना आनी  सैमिक  परिसंस्थांचे संरक्षण करपाच्या गरजेचेर  भर दिला. झारखंडसारख्या राज्यांकडे समृद्ध सैमिक  साधना  आसून तांच्ये जतन करप गरजेचे   आशील्याच्ये   निरीक्षण न्यायालयान नोंदयला . सरन्यायाधीश सूर्यकांत हांच्या अध्यक्षतेखाय्च्या खंडपीठान, राणा वाठारानफातर  खणकाम आणि स्टोन क्रशरबाबत झारखंड उच्च न्यायालयाच्या आदेशाक  आव्हान देवपी झारखंड राज्य प्रदूषण नियंत्रण मंडळान दाखल केल्या याचिकेचेर  सुनावणी करताना ही टिप्पणी केल्या..

आय सी सी बायलांच्या टी-20 विश्वचषक सर्तींत  आयज भारतीय  वेळा प्रमाण  राती 11 वरांचेर लीड्सां हेडिंगले  हांगा वेस्ट इंडीज आनी स्कॉटलंड ह्या पंगडा मधी खेळ जातलो.  हाचे आदीं ह्याचमैदानार अ गटांतल्या मॅचींत भारतान नेदर्लंड्साचेर 95 धांवड्यांनी जैत मेळयलें.

फुडल्या चार-पांच दिसांत तेलंगणा, ओडिशा, झारखंड, बिहार, छत्तीसगडांतल्या आनीक कांय वाठारांनी मनसून  पावस आनीक फुडें वचपाची परिस्थिती  आसा अशें भारतीय  हवामान खात्यान सांगलां. आय एम डीच्या म्हणण्या प्रमाण आसाम, मेघालय, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांगा फुडले चार दीस व्हड ते खूब व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा. फुडले दोन दीस अरुणाचल प्रदेश, बिहार, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान सांगला. फुडें दिल्ली, पंजाब, हिमाचल प्रदेश, छत्तीसगड, हरियाणा, चंडीगढ, मध्य प्रदेश, मराठवाडा, ओडिशा आनी उत्तर कर्नाटकांत सोमारा मेरेन गडगड आनी जोगला पडपाची शक्यताय आसा.